# गोवा कोंकणी अकादमीच्यो येवजण्यो जाहीर

ता. 16 जुलय 2024

गोवा कोंकणी अकादमीन 2024-2025 ह्या अर्थीक वर्सा खातीर वेगवेळ्यो येवजण्यो जाहीर केल्यात आनी इत्सूक लेखक आनी प्रकाशकां कडल्यान अर्ज मागयल्यात. गोवा कोंकणी अकादमीन जाहीर केल्ल्यो येवजण्यो अश्यो- पयलो चवर येवजण (लेखकाचें पयलें पुस्तक उजवाडावपा खातीर 75 टक्के अर्थीक पालव ), साहित्य प्रभा येवजण (पुस्तक उजवाडावपा खातीर 70 टक्के अर्थीक पालव ),प्रतिभा सन्मान येवजण (प्रकाशन पालव- प्रकाशका कडल्यान जानेवारी 2023 ते डिसेंबर 2023 मेरेनची पुस्तकां विकती घेवप), बाल साहित्य प्रकाशन येवजण (पुस्तक उजवाडावपा खातीर 70 टक्के अर्थीक पालव ), कोंकणी नाटक मांड येवजण (पुस्तक उजवाडावपा खातीर 75 टक्के अर्थीक पालव ), लोकवेद पुस्तक प्रकाशन येवजण (लोकवेदाची पुस्तकां उजवाडावपा खातीर 70 टक्के अर्थीक पालव ) आनी शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण (शिक्षणीक पुस्तकां प्रकाशीत करपा खातीर 70 टक्के अर्थीक पालव ).

तशेंच इत्सूक संस्थां आनी विद्यार्थ्यां कडल्यान फुडल्या येवजण्या खातीर अर्ज मागयल्यात. शिक्षणीक, बाल साहित्य, लोकवेद, अणकार, संगीत ह्या विशयांचेर कृतीसत्रां/शिबिरां आयोजना खातीर अर्थीक पालव, लेखक तुमचे भेटेक आनी विद्यार्थी लेखकांचे भेटेक (शिक्षणीक मळां वयल्या संस्थांनी अर्ज करप), कोंकणी शिक्षणीक शिश्यवृत्ती ( बी. ए./एम.ए./पिएचडी. पांवड्यार यांत शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर शिश्यवृत्ती0, कोंकणी संगीत कार्यावश निर्मिती (संगीत क्षेत्रांत कार्य करपी संस्था कडल्यान अर्ज), लोकवेद संशोधनवृत्ती/लोकवेद प्रकल्प (दस्तायेवजीकरणा खातीर आनी संशोधना खातीर अर्थीक पालव).

वयल्या येवजण्यांची अर्जीपत्रां अकादेमीच्या गोवा संचार भवन, बी. एस. एन. एल. बिल्डिंग, 5वो माळो, पाटो पणजी गोंय हांगाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसात. इत्सुकांनी अर्ज बरोवन दिवपाची निमाणी तारीख 30 जुलय 2024 मेरेन आसा. हेर म्हायती खातीर अकादेमीच्या 7775891857 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो वा कार्यालयांत भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/315

--

--------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.